**वंदे मातरम् राष्ट्रीय गीताचे 150 वें वर्स कार्यावळीच्या विशेंश टप्प्यानिमतान रील मेकिंग सर्त**

ता. 23 मार्च 2026

वंदे मातरम् राष्ट्रीय गीताचें 150 वें वर्स मनोवपाच्या कार्यावळीच्या 23 ते 30 मार्च 2026 मेरेनच्या विशेंश टप्प्यानिमतान रील मेकिंग सर्त आयोजीत केल्या. देशभक्ती, राष्ट्रीय एकजूट, सांस्कृतीक दायज आनी वंदे मातरम् राष्ट्रीय गीताचो संदेश आनी प्रेरणा दिवपाच्या उद्देशान आयोजीत केल्ल्या रील तयार करपाच्या सर्तीत सहभाग घेवपा खातीर कला आनी संस्कृती संचालनालयान प्रवेशीका मागयल्यात.

रील एका मिनिटा परस कमी आसपाक जाय आनी ते चड करून व्हर्टिकल व्हिडिओ (9:16), MP4/MOV फॉर्मेटात आसचे. रीलात वंदे मातरम् गीताच्या वापराक प्रोत्साहन आसा, पुण सक्तीचे ना आनी वापर केल्लो आसत जाल्यार गीताचो आदर आनी मान राखिल्लो आसपाक जाय. सर्त 18 वर्सां पिराये मेरेन आनी 18 वर्सां पिराये वयर अशा दोन गटात आयोजीत करतले. दर एक गटात पयले इनाम 10,000/- रूपया, दुसरे इनाम 7,000/- रूपया आनी तिसरे इनाम 5,000/- रूपया आसतले.

सर्तीत सहभागी जावप्यांनी आपले रील 9422061650 ह्या व्हॉटसॅप नंबरा वरवीं 30 मार्च 2026 दिसा सांजेच्या 5.00 वरा पयली धाडपाक जाय. चड म्हायती खातीर 0832-2404600/630/631 फोन नंबराचेर संपर्क करचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/199

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.